

# ।। अथ श्रीसाईसच्चरीत ।। अध्याय ८ ।।

।। श्रीगणेशाय नमः ।। श्रीसरस्वत्यै नमः ।। श्रीगुरूभ्यो नमः ।। श्रीकुलदेवतायै नमः ।। श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ।। श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ।। फाटल्या अध्यायांत जालें कथन । कशे साई हिंदू वा मुसलमान । कितें ते शिरडीचें भाग्य गहन । स्थान स्वताचें जें बाबांचें ।।१।। कशे बाबा सुरवातीक पोर । उपरांत जाले पिशे फकीर । कशी केली बाग सोबीत सुंदर । मूळचे पडींग सुवातेची ।।२।। कसो काळांतरान मुखार । उबारलो वाडो त्याच जाग्यार । बाबांचो धोती पोती खंडयोग अपार । केलें वर्णन त्या पराक्रमाचें ।।३।। कूड आपली झरोवन । सोंसले कसले हाल बाबान । भक्तकैवारी ह्या साईरायान । वर्णन करूं हांव कशें तांचें ।।४।। आतां मनीस जल्माचें व्हडपण । आयकात साईंचे भिक्षावृत्तीचें वर्णन । बायजाबायचें संतसेवन । अपरूप बाबांच्या जेवणाखाणाचें ।।५।। तात्या म्हाळसापती बाबा मेळून । कशे न्हिदताले मशिदींत सांगातान । कशे खुशालचंदाच्या घरांत वचून । करताले राबितो श्रीसमर्थ ।।६।। दीसपट्टो उदय दीसपट्टो अस्त । वर्सांचीं वर्सां गेलीं फुकट । अर्दी जीण घालयली न्हिदेंत । उरिल्लीय वचना सुखान ।।७।। भुरगेपण घालयलें खेळांत । तरणेपण सारलें मजेंत । फाटीक लागलीं जाणटेपणांत । दुर्येसां तरातरांचीं ।।८।। जल्माक येवन खावप पियेवप । स्वास उस्वास घेत रावप । जीण लांबचे लांब जगप । जिणें हें कसलें ह्या जल्माचें ।।९।। परमार्थप्राप्ती हीच खरेपणाची । कर्तव्यपुर्ती मनीस जल्माची । नाजाल्यार सगले मोनजातीची । रीत जगपाची वायट कित्याक ।।१०।। तींय आपलें पोट भरतात । नव्या जिवांक जल्म दितात । थंय व्हडपण कसलें मनीसजल्मांत । सारकेपण जेन्ना

दोगांय मर्दीं ॥११॥ सूख भोग आनी कुडीची पोसवण । हेंच जर मनीस कुडीचें साधन । हेंच जर ह्या जल्माचें [1]पर्यवसान । जाल्यार मनीसजल्म हो निरर्थक ॥१२॥ न्हिदप आनी खाणजेवण । हातुंतूच जर सोंपता जीण । जाल्यार घेयात निर्णय विवेकान । फरक तो कसलो मनीस-मोनजातींत ॥१३॥ हीच जर नरदेहाची सफळटा । झाड जावपांत कितें वायट आसता । भातोय स्वास उस्वास घेता । मोग कुडीचो मोनजातिकूय ॥१४॥ मनीस जीव मुक्त आसा । तो निर्भय तो स्वतंत्र आसा । तो शाश्वत ही जाणविकाय आसा । सफळटाय ही जल्माची ॥१५॥ खंयच्यान आयलों, आपूण कोण । मनीसजिणेचें कितें कारण । हांगाचें बीज वळखतलो तो प्रवीण । ताचे बगर खेद मागीर सगलो ॥१६॥ जशी नंदादिपाची ज्योत । आदीं-अंतीं दिसता एकूच । तरीय वेगळी खिणाखिणांत । तशीच स्थिती कुडीची ॥१७॥ भुरगेंपण तरणाटेंपण जाणटेंपण । हांची आसा सगल्यांक जाण । पूण येतात वतात सभावीकपणान । कळनासना कोणाक आपसूक ॥१८॥ दिसता म्हणसर ना जाता । असंख्य तरीय एकूच दिसता । तशीच कूड जी आतां आसता । नासता फुडल्या खिणांत ॥१९॥ कूड ही हळशिकेची खण । शेंबूड पूं लाल सगली घाण । खिणाखिणाक दवरलां मरण । वायट गुणीं व्हड ही ॥२०॥ उयो दंत किडींचें घर । अनेक दुयेसांचें आगर । नाशवंत आनी उरपी खीणभर । ती ही कूड मनशाची ॥२१॥ मांस रगत शिरांचो गाडो । हाडां-चामडेचो सांगाडो । मूत गू घाणीचो [2]राडो । अडचणींचें लटांबर हो मनीसदेह ॥२२॥ कात मांस रगत शिरो । चरबी मेंदू हाडां वारो । शिस्न योनी शौचदार भाग घाणयारो । देह सगलो हो खीणयाळो ॥२३॥ असो हळशीक आनी नाशवंत । देह जरी खीणयाळो आसत । तरी मंगलकारी परमेश्वर फकत । मेळटलो हाताक ताच्याच ॥२४॥ सदांच लागल्या जल्म-मरण ।

---

१. अखेर, अंत, शेवट. २. चिखोल.

कल्पनेचीच भिरांत ही [1]दारूण । कानाक पसून लागचे आदीं कान । वतले प्राण हे अचकीत ॥२५॥ कोणाक खबर दीस आनी रात । कितले येतात कितले वतात । [2]मार्कंडेयाचें आयुश्य जगतात । चुकना काळगती तांकांय ॥२६॥ अशे खीणयाळे मनीस कुडीक । कथावार्ताय पुण्यश्लोक । गेल्लो काळूच पडटा उपेगाक । व्यर्थ तो ताचे बगर ॥२७॥ हाची खात्री जातकूच निश्चीत । हेंच जल्माक आयिल्ल्याचें हीत । पूण विस्वास हो ना बसत । अणभवा बगर कोणाकूच ॥२८॥ तरीय येवपाक हो अणभव । करचो पडटा अभ्यास [3]विभव । शाश्वत सुखार्थी हो जीव । वैभव ताणें हें मेळोवचें ॥२९॥ बायल भुरगीं ऐश्वर्य वित्त । धरतरेक दर्या रेवडायत । देवादयेन इतलें मेळून लेगीत । रावता तो अतृप्त मनांत ॥३०॥ शाश्वत सूख आनी शांती । हीच मोख दवरून चित्तीं । आदीतत्वांत भगवंत ही एक भक्ती । परमप्राप्तीदायक ॥३१॥ मांस रगत हाडां हांचो । केला जोडून सांगाडो कुडीचो । लटांबर प्रत्यक्ष परमार्थाचो । आस ताची सोडात ॥३२॥ मानचो ताका फकत चाकर । बसोवं नाकात कसोच माथ्यार । लाडकायो करूं नाकात निरंतर । करूं नाकात दार नरकाचें ॥३३॥ जगपा पुरतें जेवणखाण । तशेंच खिणा पुरतेंच पालन । वापरात अध्यात्मीक उन्नतीक लागून । जल्ममरण चुकोवपाक ॥३४॥ जल्ममरणांत ना अर्थ । खिणाखिणाक विनाशाची भिरांत । कसलें खीणयाळें हाचें सूख । सदांच जो भुकेल्लो सुखाचो ॥३५॥ जोगूल जशें अचकीत दिसता । पळयता म्हणसर नाच्च जाता । दर्यांतलीं खीणभराचीं ल्हारां उफेता । पळयात करून विचार ॥३६॥ कूड अपत्य स्त्री जन । नाशवंत सगलें जाणून पसून । आवयबापायक खांदो दिवन । वळखना जो आपले आपणाक ॥३७॥ मेल्ल्या फाटल्यान खुशाल मरतात । जल्म–मरणाचे फेरे घुंवतात । पूण ते कसल्या लक्षणान

१. भिरांकूळ. २. दीर्घ आयुश्य. ३. ऐश्वर्य.

आवरतात । करिना विचार खीणभर ॥३८॥ करतना नित्य कुटुंबाची भर । जीण सरता भराभर । जीण मेजपांत काळ तत्पर । विसरना तो आपल्या कर्तव्याक ॥३९॥ पावतकूच लागीं निमाणो वेळ । थांबना तो एक [1]पल । कोळयान ओडटकूच जाळ । फडफडटा मरणाक जीव तसो ॥४०॥ व्हड भाग्याची समृद्धी । आसली जोड पुण्याची । मेळ्ळी जोड मनीस कुडीची । घडयेन घडी करची साध्य ॥४१॥ केले तरीय यत्न भगीरथ । मनीस कूड ही जायना प्राप्त । फकत अनपेक्षीतपणानूच येता हातांत । फुकट मातयेंत घालची कित्याक ॥४२॥ फुडल्या जल्मांत करतलो म्हणल्यार । एकदां हो हातांतल्यान गेल्यार । बरो आसा परत मेळ्ळयार । मूर्ख तो जो मानता अशें ॥४३॥ कितलेशेच पापी देहवंत । जावन शुक्रबीज युक्त । योनीदारा कडेन जमतात । करपाक धारण शरीर ॥४४॥ कितलेशेच ताचे परसूय [2]अधम । आसतना जंगमवर्गीं जल्म । परतून स्थावरभाव परम । यथाकर्मान मेळटा तांकां ॥४५॥ जाणें जशें मेळयलें ज्ञान । जाच्या जशें कर्माचें अनुश्ठान । तशें ताका शरीर ग्रहण । योग हो वेदवाक्य प्रमाण ॥४६॥ [3]''यथाप्रज्ञं हि संभवा'' । म्हणटा वेदमाय भोव [4]कणवा । जसो जाचो विज्ञान ठेवा । उत्पत्ती जिवाची तशीच ॥४७॥ अगाध ईश्वरी [5]विंदान । अशक्य तांचें पुराय ज्ञान । अंश पसून मेळ्ळें जरी कवण । एक तो धन्य मनीस देह ॥४८॥ मनीसजल्म हो परम भाग्यान । ब्राह्मणवर्ण व्हड पुण्यायेन । साईचे चरण ईश्वरी कृपेन । लाभ हो पुराय असंभवनीय ॥४९॥ योनी जरी अनेक आसात । मनिसूच श्रेश्ठ त्या सगल्यांत । आयलों खंयच्यान कोण निर्मीत । विवेक-श्रेणी मनशाचीच ॥५०॥ हेर योनी हें वळखनात । जल्मतात तश्योच मरतात । भूत भविश्य वर्तमानांत । कळना लिला ईश्वरी ॥५१॥ म्हणुनूच मनशाची कूड निर्मून । ईश्वर गेलो खोसयेन भरून । की विवेक वैराग्य सांबाळून । करतलो मनीस भजन

---

१. खीण. २. महापापी. ३. स्वताच्या ज्ञानाक अनुसरुनूच जल्म मेळटा. ४. काकुळटेन. ५. लिला.

आपलें ॥५२॥ विनाशी मनीस करतकूच भजन । जातलो अविनाशी नारायण । नरदेहा सारको साधन संपन्न । ना आनीक कोण हे धरतरेर ॥५३॥ गारुडी स्वता व्हडलो हुशार । खेळ करिना अज्ञानां मुखार । जाणटा कुशळटायेचें वर्मसार । रावता तो गर्देक प्रेक्षकांचे ॥५४॥ तशींच सुकणीं सावजां साबार । निर्मून झाडां जीवजंतू अपार । सखेद अजाप परमेश्वर । [1]लिलानिसार भासली ताका ॥५५॥ अफाट हो ब्रह्मांडविस्तार । चंद्र सूर्य गिऱ्यांचो भार । निर्मात्याचे तोखणायेचो विचार । करिनात कोणूच कुसकूटभर ॥५६॥ हो सगलो खेळ करपांत । म्हजो जगदिशाचो कितें हेत । ह्या अर्थाचो विचार लेगीत । करिना प्राणी एक पसून ॥५७॥ म्हजी [2]अतूळ वैभव समृद्धी । वळखतलो असो तिक्ष्ण बुद्दी । प्राणी निर्मिलो ना [3]तदवधी । फुकट [4]त्रिशुद्धी कार्य म्हजें ॥५८॥ असो करून विचार जगदिशान । निर्मिलो प्राणी मनीस रुपान । जो सारासार बुद्दी विचारान । वळखतलो म्हजें सामर्थ्य ॥५९॥ अगाध म्हजें वैभव । तशीच म्हजी शक्त अपूर्व । मायेचो हो खेळ पुराय । जाणटा तो अजापीत रितीन ॥६०॥ करतलो तोच ज्ञानसंपादन । म्हजें चिंतन आनी निरिक्षण । तोच भरून वतलो अजापान । जातलो खेळ पूर्ण म्हजो ॥६१॥ प्रेक्षकांची जी आनंदसंपन्नताय । तीच म्हाका म्हज्या खेळाची परिपूर्णताय । पळोवन म्हजी विश्वव्यापकताय । मानतलो धन्यताय मनीस ॥६२॥ काम कर्म धन संपादन । इतलीच न्हय कुडीची पोसवण । जीणभर तत्वज्ञान संपादन । हीच सफळटाय जिणेची ॥६३॥ तत्व तेंच जें अभेद ज्ञान । तेंच उपनिषद् ब्रह्मज्ञान । तेंच परमात्म उपासन । तेंच तो भगवान भक्तांचो ॥६४॥ गुरू-ब्रह्म न्हय दोन । जालें जाका हें अभेद ज्ञान । हीच भक्ती घडटकूच जाण । तरप सोंपें जे मायेंतल्यान ॥६५॥ जे श्रद्धावंत पुरूष योग्य । संपादतात ज्ञान वैराग्य । हें आत्मतत्वूच निजभोग्य । जाणात

---

१. निसत्व. २. जिका तोड ना अशी. ३. अजून मेरेन. ४. तीन तरांनी शुद्ध जाल्लें. कूड, उतर आनी मन हांची शुद्धताय.

भक्त ते भाग्यवान ॥६६॥ स्वस्वरुपाचें नासप भान । निस्तारले बगर तें अज्ञान । स्वताक धादोशी मानता जो आपूण । विरोध एक हो विलक्षण ॥६७॥ ज्ञान आनी अज्ञान । दोनूय हे दोश अज्ञानांतल्यान । कांटो काडटात जसो कांट्यान । तशेच मारात भायर दोगांकूय ॥६८॥ ज्ञानान पयस करात अज्ञान । ब्रह्मगिन्यानी जावन पूर्ण । निर्मळ स्वस्वरूप अवस्थान । होच एक परिणाम मनीस जल्माचो ॥६९॥ करिनासतना [१]स्नेहाची [२]रांगोळी । अज्ञानाच्या काळखाची काजळी । ''हांवपणाचे'' वातीची होळी । परजळीना ज्ञान उजवाड आपलो ॥७०॥ मनीस देहाचें जें जें कार्य । आसूं निवारपा सारकें वा अनिवार्य । हें तर सगलें बुद्‌दीकर्तव्य । निश्चया सारकें जाणचें ॥७१॥ आमकां ना काम दुसरें । सुसेगाद सूख ऐश्वर्य भोगचें । नाजाल्यार रामनाम चिंतन करचें । जावचे [३]निश्काम हुसक्यामेकळे ॥७२॥ कुडीर्ची इंद्रियां–मन बुद्‌दी । ह्यो सगल्यो आत्म्याच्यो [४]उपाधी । [५]इहींच आत्मो नशीब उपाधी । स्वता [६]अनादि अभोक्ता ॥७३॥ आत्म्याचें नशीब [७]औपाधिक । स्वता अभोक्ता सभावीक । शास्त्र न्याय [८]अन्वय [९]व्यतिरेक । प्रमाण पळयात हे अर्थी ॥७४॥ हें एक जाणून आपलें वर्म । ओंपचें बुद्‌दीक मेळिल्लें कर्म । तिच्याच हातांत मनाचे धर्म । स्वता [१०]निश्कर्म वागचें ॥७५॥ स्वधर्माचें अनुश्ठान । सदांच आत्मानात्म चिंतन । हेंच मनीस जल्माचें पर्यवसान । समाधान स्वरुपांत ॥७६॥ मनीस कुडी सारकें ना [११]आन । चारूय [१२]पुरुशार्थ साधपाचें साधन । जो मनीस अभ्यासपरायण । तो नारायणपदाक पावतलो ॥७७॥ म्हणुनूच जावचे आदींच नाश कुडीचो । करात यत्न आत्मज्ञान घेवपाचो । खीण एकूय मनीसजल्माचो । घालोवं नाकात फुकट ॥७८॥ दर्याचें खारें उदक । पडटकूच

---

१. विशयप्रितीरुपी तेलाची. २. समूळ नाश. ३. फळाची इत्सा सोडून. ४. विशेशणां. ५. ह्या मृत्युलोकांतूच. ६. जाचो आरंभ काळ खबर ना असो.
७. उपाधींनी भरिल्लें. ८. संबंध. ९. भेद. १०. काम करिनासतना. ११. आनीक. १२. धर्म, अर्थ, काम आनी मोक्ष.

कुपांच्या हातांत । जशें जाता गोड अमृत । तेंच सूख लागतकूच गुरुचरणांक ॥७९॥ हे मनीसकुडीची सद्गती । गुरू बगर ना कोणाकूच कळपाची । गुरूच जेन्ना धरता हातीं । तेन्नाच उद्धरतात स्थूल जीव ॥८०॥ मंत्र तीर्थ देव [1]द्वीज । ज्योतिर्वेद आनी [2]भेषज । तशेच सातवे गुरूराज । भावना कारण ह्या सगल्यांक ॥८१॥ जाच्या मनांत भावना जशी । सिद्धीय मेळटा ताका तशी । चड उणी गती जशी । सिद्धीय समजात तशीच ॥८२॥ बांदिल्ल्याक करता [3]मुमुक्षु संत । मुमुक्षुचो करता मुक्त । [4]अव्यक्ताचो जावन [5]व्यक्त । परोपकारा खातीर करता हें ॥८३॥ कार्य जायना जें व्याख्यान पुराणान । सोंपें तें सत्पुरुशाच्या चरणान । ताच्या हालप चलपांतल्यान । जाता उपदेश उतरां बगर ॥८४॥ माफी शांती विरक्तताय । मोनजाती विशीं परोपकारताय । [6]इंद्रियनिग्रह निगर्वताय । हांचें आचरण करपी कुस्तार ॥८५॥ मेळना जें वाचुनूय ग्रंथ । सोंपे तें पळयल्यार एक क्रियावंत । करिना जें मळब अनंत । करता सूर्य एकलोच ॥८६॥ तशेच हे व्हड मनाचे संत । सहज क्रिया तांच्यो अनंत । करतात जिवांक बंधमुक्त । दितात सुखसंपन्नताय व्हड ॥८७॥ तांचे मदलेच एक साईमहंत । ऐश्वर्यवंत आनी गिरेस्त । तरीय फकिरा भशेन वागत । आत्मतत्पर सदांच ॥८८॥ अनवच्छिन्न जांची समानता । हांव म्हजें ही ना वार्ता । भूतीं साक्षात भगवंतता । काकुळट जीवमात्रां विशीं सदांच ॥८९॥ सुखांत जाका जायना खोस । दुख्खांत जो करिना शोक । एकसारके जाका राजा रंक । कवतूक हें कितें सामान्य ॥९०॥ जाची [7]भ्रुविक्षेपलहरी । खिणांत रंकाचो राव करी । तो स्वता झोळी घेवन हातीं । भोंवता दारांदारांत ॥९१॥ धन्य ते लोक जांच्या दारांत । बाबा वचून भिक्षा मागीत । 'माई, दी इल्लीशी भाकर' म्हणीत । पसरावन हात आपले ॥९२॥ झोळी एका हातांत । धरून टमरॅल दुसऱ्यांत । भोंवताले दारादारांत ।

---

१. भट. २. वखद. ३. मोक्षाची इत्सा धरपी. ४. अदृश्य. ५. स्पश्ट. ६. ताबो. ७. दोळ्याची पाती हालपाचो खीण.

नेमान घरांनी दीसपट्टे ॥९३॥ भाजी सांबारें दूद ताक । पदार्थ अशे एक एक । दिताले प्रेमभक्तीन लोक । पळयात हें कवतूक खाणांचें ॥९४॥ शिजिल्लें शीत वा भाकरी । घेवपाक पसरताले [1]चौपदरी । पातळ पदार्थ मागीर कशेय तरी । भरताले आपल्या टमरॅलांत ॥९५॥ पदार्थ–पदार्थांची घेवपाक रूच । नासली तांकां आस कसलीच । रूचबीच जिबेक नासलीच । जिवाक तरी ती कशी आसतली ॥९६॥ पडलां जें झोळयेंत सहजपणान । धादोशी जावचें तेंच खावन । रुचीक वा पचपचीत तें पळोवंक म्हणून । नासली रुचूच जांचे जिबेक ॥९७॥ दिसाचे गांवांत भोंवून । हाडटाले भिक्षा मागून । तातुंतूच पोट भरून । जाताले धादोशी संपूर्ण ॥९८॥ भिक्षेकूय नासले सदांच वचत । इत्सा जायत तेन्नाच मागीत । केन्ना बारा फावटीं एकाच दिसांत । भोंवताले भिक्षेक गांवांत ॥९९॥ अशें जें हाडीत अन्न । दवरीत मशिदींतले कुंडयेंत व्हरून । खावचें तें कावळे सुण्यान । धांवडायनासले तांकां केन्नाच ॥१००॥ मशीद, आंगण जी झाडटाली । तातूंतल्यो धा–बारा भाकरी काडटाली । आपूण घरा व्हरताली । विचारिनासले कोणूच तिकाय ॥१०१॥ सुण्या माजरांक घालप धांवडावन । जो नकळो सपनांत पसून । तो गरिबांक आडायत कसो म्हणून । धन्य जीण अशी तांची ॥१०२॥ सुरवातीक हो पिसो फकीर । ह्याच नांवान जाल्लो मशहूर । कुडके मागून भरी उदर । प्रतिश्ठा ती कसली तांची ॥१०३॥ फकीर आसुनूय हाताचो सदळ । निरपेक्ष आनी मोगाळ । भायल्यान चंचल मनांत अचल । कळनासल्यो कळा तांच्यो कोणाक ॥१०४॥ अशाय त्या कुग्रामांत । जल्माचेच भोव दयावंत । आसले कांय भाग्यवंत । ते मानीत महंत तांकां ॥१०५॥ तात्या कोते हांची आवय । नांव जिचें बायजाबाय । पांटल्यांत दवरून भाकऱ्यो कांय । वताली घेवन रानांत दनपारची ॥१०६॥ मैल मैल रान भोंवचें । झाडां झोंपां

---

१. झोळी.

माड्डयत चलचें । पिशा फकिराक सोदीत भोंवचें । करचो नमस्कार वचून ॥१०७॥ कितलें तिचें तें सत्व थोर । वली सुकी भाजी भाकर । रानावनांत दनपार तिनपार । भरयत ती बाबांक ॥१०८॥ अशें तिचें तप आचरण । बाबाय विसरलेनात पुराय जीण । केलें तिच्या पुताचें कल्याण । स्मरण पूर्ण दवरून ॥१०९॥ दोगांय त्या आवय पुताची । दृढ भक्ती बाबा विशींची । फकिरूच देवता दोगांयची । आसता देव भावार्थांतूच ॥११०॥ फकिरान ध्यानस्थ बसचें । बायजाबायन पान मांडचें । पाटल्यांतलें अन्न वाडचें । लावचें खावंक व्हड यत्नांनी ॥१११॥ ''फकिरी बादशाही पयली । फकिरी ही सदांच उरतली । गिरेस्तकाय ती खीणयाळी'' । बाबा सदांच म्हणटाले ॥११२॥ फुडें बाबांनी रान सोडलें । गांवांत येवन रावपाक लागले । मशिदींत अन्न खावपाक लागले । चुकयले त्रास आईचे ॥११३॥ असो हो नेम तेन्नाच्यान । जसो चलयलो अखंडपणान । तसोच तो तांचे फाटल्यान । चलयलो कायम तात्यांनीय ॥११४॥ धन्य धन्य सदांच ते संत । वासुदेव जांच्या काळजांत । आसलो त्या भक्तांच्या भाग्यांत । सांगात तांचो मेळपाचो ॥११५॥ तात्या महाभाग्यवान । म्हाळसापतीचीय पुण्याय म्हान । बाबांच्या सांगाताचो मान । मेळटालो सारकोच दोगांकूय ॥११६॥ तात्या आनी म्हाळसापती । मशिदिंतूच न्हिदताले रातीं । बाबांचीय उपाट प्रिती । दोगांचेरूय तितलीच ॥११७॥ उदेंत अस्तंत उत्तरेक । तकल्यो तिगांच्योय तीन दिशांक । पांय एकामेकांचे पांयांक । ज्युस्त मर्दी तेंकताले ॥११८॥ घालून हांतरुणां अशे तरेन । गजाली चलताल्यो नेटान । एकल्याक आयल्यार न्हिदेची लकण । जागोवचो ताका दुसऱ्यान ॥११९॥ तात्या जेन्ना घोरेवपाक लागत । बाबा उठयताले अचकीत । उमथे उदारे तांकां करीत । चेपीत माथें तांचें स्वताच ॥१२०॥ घेवन सांगाताक म्हाळसापतीक । तेंकताले दोगूय तात्यांक । आंवळून धरीत पांय दामपाक । रगडटाले तांची फाटूय ॥१२१॥ अशीं चवदा वर्सां

मशिदींत । तात्या न्हिदले बाबांचे संगतीत । उरतले सदांकाळ यादींत । दीस ते सारिल्ले भाग्याचे ॥१२२॥ दवरून घरांत आवय बापायक । न्हिदले मशिदींत बाबा सांगाताक । मेजतले खंयच्या मापान त्या प्रेमाक । मोल हे कृपेचें करीत कोण ॥१२३॥ फुडें बापायक मरण आयलें । तात्या घरसंवसारांत पडले । जावन घरकार दादले । लागले न्हिदपाक घरांत ॥१२४॥ आसूं, असो निश्ठावंत भाव । ताकाच साईंचो अणभव । अचकीत उबो स्वयंमेव । येता पळोवंक भक्त कवतूक ॥१२५॥ तशेच आसले राहात्याक । बाबांचे गिरेस्त भक्त एक । खुशालचंद नांवान नामनेक । पाविल्ले नगरशेट गांवांत ॥१२६॥ नामनेचे पाटील गणपत कोते । बाबांचे ते भोव आवडटे । आसले खुशालचंदाचे चुलते । मोग तांचेरूय श्रीसाईंचो ॥१२७॥ जातीचे जरी मारवाडी । बाबां विशीं व्हड भक्ती । दोगांयच्यो जाताल्यो भेटी । खबरो सुखदुख्खाच्यो ॥१२८॥ हरीचे इत्शेन कांय काळान । वडील शेठजीक आयलें मरण । बाबा विसरलेनात मात पसून । वाडलो मोग दुपेटीन ॥१२९॥ मुखारूय खुशालचंदांचेर । वाडत गेलो बाबांचो मोग अपार । दीसरात जीव आससर । जगले कल्याणा खातीर तांच्या ॥१३०॥ केन्ना बैलगाडयेन केन्ना टांग्यान । मोगाळ सांगात्यांक वांगडा घेवन । मैल देड मैलांचेर थंयच्यान । वताले बाबा राहात्याक ॥१३१॥ गांवचे लोक येताले मुखार । धोल ताशे गाजताले अपार । बाबांक येवकारताले शिमेचेर । घालून लोटांगण पांयांचेर ॥१३२॥ थंयच्यान मागीर बाबांक गांवांत । व्हरताले वाजयत गाजयत । सुवाळो तो खुशालभरीत । वर्णन ताचें अशक्य ॥१३३॥ खुशालचंद आपल्या घरांत । बाबांक आदरान येवकारीत । तांकां आहार फळार दिवन उपरांत । बसयताले सुखासनाचेर ॥१३४॥ मागीर त्यो खबरो आदल्यो । दोगांय मदीं चलताल्यो । कोण ती वर्णूंक शकतलो । खुशालकाय तांची तेन्नाची ॥१३५॥ असो हो आनंद विहार ।

जातकूच पूर्ण आहार फळार । बाबा मागीर [१]स्वानंदनिर्भर । सांगात्यां वांगडा परतताले ॥१३६॥ एके वटेन हो राहाता गांव । दुसरे वटेन तो निमगांव । दोगांय मर्दी शिरडी गांव । परम पावन श्रीसाईंचो ॥१३७॥ जरी ह्या मध्यबिंदू कडल्यान । भायर ह्या दोनांय गांवांतल्यान । गेलेनात जरी स्थूल देहान । तरीय खबर आसताली सगल्यांची तांकां ॥१३८॥ नासलें हेर खंयच प्रयाण । नासलें केन्ना आगगाडयेचें दर्शन । तरीय तिचो गमन [२]आगमन । वेळ ज्युस्त खबर तांकां ॥१३९॥ वेळार ती गाडी धरपाक । भक्तांची जाताली ताकतीक । बाबां कडेन गेल्यार आज्ञा मागपाक । म्हणटाले गडबड करतात कित्याक ॥१४०॥ बाबा, केलिना जर धांवपळ वचपाची । चुकतली म्हजी गाडी मुंबयची । भिरांत नोकरीय वचपाची । सायब काडून उडयतलो म्हाका ॥१४१॥ सायब हांगा ना कोण दुसरो । कित्याक करता कळवळो । चल खा भाकरेचो कुडको । वच दनपारां करून जेवण ॥१४२॥ आतां हें सांगणें न्हयकारूंक । काळीज जातलें व्हय कोणाक । ल्हान व्हड शाण्या पिशाक । अणभवविज्ञान हें सगल्यांक ॥१४३॥ जाणें जाणें आज्ञा मानली । ताका गाडी केन्नाच ना चुकली । मात जाणें ती न्हयकारली । घेतलो अणभव रोखडोच ॥१४४॥

---

१. हे विशीं रा. हरी सीताराम दीक्षित हांकां आयिल्लो एक अणभव - एका दिसा दनपारां म्हाराज म्हाका म्हणपाक लागले, ''खुशालभाऊ आयल्यार बरेच दीस जाले. तूं टांगो घेवन रहात्याक वच आनी तांकां घेवन यो. तांकां म्हणचें, तुमकां बाबांनी आपयल्यात''. ते प्रमाण हांव टांगो घेवन रहात्याक गेलों. खुशालभाऊंची भेट जाली. ते म्हणपाक लागले, ''हांव दनपारां जेवन न्हिदिल्लों. तेन्ना म्हाराज सपनांत आयले आनी म्हणपाक लागले, ''शिरडीक वच.'' ते प्रमाण म्हाका वचपाची उमळशीक लागली. पूण आयज म्हजे घोडे हांगा नात म्हणून म्हाका येवपाक मेळना. म्हणुनूच हांवें आतांच म्हज्या पुताक शिरडीक धाडला.'' ताचेर हावें म्हणलें, ''तेच खातीर बाबांनी म्हाका टांगो घेवन धाडला. तुमी येतात जाल्यार म्हजो टांगो तयार आसा.'' तेन्ना व्हड खोसयेन ते म्हजे वांगडा आयले.

२. येवपा-वचपाचो.

**एका फाटल्यान एक अभिनव । अगणीत अशे अणभव । अनेकांचे अनेक अपूर्व । सारांशान मुखार सांगतलों ।।१४५।। हेमाड साईचरणांचेर शरण । फुडल्या अध्यायांत हेंच निरुपण । भक्तांक वचपाक गांवा कडेन । लागतालें आज्ञापन बाबांचें ।।१४६।। आज्ञा जातली तो तो वतलो । आज्ञा मेळनासली तो तो उरतलो । अपमान करपी त्रासांत पडटलो । कथन फुडल्या अध्यायांत हाचें ।।१४७।। तशेंच साईंचे भिक्षा वृत्तीचें धारण । गरज कसली तांकां खावपाची भिक्षान्न । [1]पंचसून असलें पापक्षालन । कथानिरुपण फुडल्या अध्यायांत ।।१४८।। म्हणून आयकुप्यांच्या चरणांचेर प्रार्थना । करतां नमळायेन खिणा खिणा । करपाक साईचरित्र श्रवणा । स्वताच्या कल्याणा खातीर ।।१४९।। संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । श्रीसाईसमर्थ अवतरण* नांवाचो हो आठवो अध्याय सोंपता हांगाच ।।**

**।। श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ।। शुभं भवतु ।।**

❍ ❍ ❍

---

१. कांडप, चूल, दळण, उदक भरप आनी शेण सारवण.

***टीप** :- श्रीसाईनाथांच्या एका सद्भक्तान सुचयलां ते प्रमाण, 'श्रीसाईसमर्थ अवतरण' हो विशय चवथ्या अध्यायांत येवन गेला. त्या अध्यायांत ''मनीस जल्माची महती, भिक्षा अन्न सेवन, बायजाबाईची भक्ती आनी तात्या -म्हाळसापती हांचें मशिदींत न्हिदप'' हांचीं वर्णना आसात. वाचप्यांनी तें लक्षांत घेवचें.